*गोंय सरकार*

*म्हायती आनी प्रसिध्दी खातें*

*पणजी गोंय*

*सरकारी पत्रक*

**माटोळी-देखावो आनी गोठो सजावट सर्तीचो बक्षीस वितरण कार्यक्रम**

ता. 6 जानेवारी 2020

कला आनी संस्कृती संचालनालयान गणेश चतुर्थी निमतान माटोळी-देखावो सर्त आनी नाताला निमतान गोठो सजावट सर्त आयोजीत केल्ली. तशेंच संचालनालयान फाटल्या नोव्हेंबर म्हयन्यात राज्य पावंड्याचेर सांस्कृतीक प्रज्ञासोद सर्त आयोजीत केल्ली. ह्या सर्तींचो निकाल संचालनालयान ह्या पयलीच जाहिर केल्लो आसून सर्तीच्या जैतवंतांक ता. 8 जानेवारी 2020 दिसा सांजेच्या 3.30 वरांचेर मल्टिपर्पज हॉल, संस्कृती भवन, पाटो-पणजी हांगा आयोजीत कार्यक्रमात इनामां भेटयतले.

कला आनी संस्कृती मंत्री श्री. गोविंद गावडे ह्या कार्यक्रमाचे मुखेल सोयरे आसतले. कला आनी संस्कृती सचीव श्री. चोखाराम गर्ग हे मानाचे सोयरे आसतले.

माटोळी-देखावो, गोठो सजावट आनी सांस्कृतीक प्रज्ञासोद सर्तीच्या जैतवंतांनी इनामां स्विकारपाक वळखपत्रासयत कार्यक्रमाक हजर रावचे, अशें आयोजकानी कळीत केला.

म्हा /सप/ जॉआ/ विगां/ 2020/21

DIRECTORATE OF INFORMATION AND PUBLICITY.
THIRD FLOOR,UDYOG BHAVAN,
NEAR AZAD MAIDAN, PANAJI GOA